आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खाब्रो

मुखेल खब्रो

दाल्गाद कोंकणी अकादेमीचे वर्सुकी पुरस्कार जाहीर जाल्यात. आनी तोमाझीन कार्दोज हांका दाल्गाद जीवनगौरव पुरस्कार जाहीर जाला

काणकोणच्या आदि लाोकोत्सवात कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकार हांचो भांगरा पदक दिवन भौमान

अनुसूचीत जमातीतल्या विद्यार्थ्यांक स्पर्धापरीक्षां खातीर आर्थिक मजत दिवपी भगवान बिरसा मुंडा लक्ष्य सिद्धी योजना अधिसूचीत जाल्या

गोंय भारतांतलें एक मुखेल पर्यटन थळ म्हूण आपली सुवातराखून आसा

बिंब मासिकाचो रौप्य महोत्सवी भतग्राम विशेषांक प्रकाशन सुवाळो फाल्यां जातलो .

रोमी कोंकणी खातीर वावुरपी मानेस्तांक दिवपी दाल्गाद कोंकणी अकादेमीचे वर्सुकी पुरस्कार जाहीर जाल्यात. आनी ह्या वर्साचो प्रतिश्ठीत दाल्गाद जीवनगौरव पुरस्कार रोमी कोंकणीतले वरिश्ठ लेखक आनी रोमी चळवळीचे वरिश्ठ फुडारी तोमाझीन कार्दोज हांका जाहीर केला. दाल्गाद कोंकणी अकादेमीचे अध्यक्ष सेल्सो फर्नांडीस हांणी आयज मडगाव हांगा ही घोशणा केली. 31 जानेवारीक मडगावच्या रविंद्र भवन सभाघरांत ही कार्यावळ जातली अशें तांणी सांगलें. दाल्गाद कोंकणी अकादेमीचे हेर पुरस्कारय जाहीर जाल्यात . दाल्गाद साहित्य पुरस्कार विन्सी क्वाद्रुश हांका, दाल्गाद कोंकणी सेवा पुरस्कार आल्फ्रेड जुदास वाज हांका, दाल्गाद सांस्कृतीक पुरस्कार प्लाटिल्डा आफोंसो ई डायस हांका, फादर फ्रेडी जे डाकोस्ता पत्रकारिता पुरस्कार डॅनियल डिसोजा हांका, जोएल डीसूझा दायज पुरस्कार मिंगेल ब्रागांझा हांका जाल्यार बर्था मीनेझीस अस्तू री पुरस्कार संध्या आंजेली फर्नांडीस हांका जाहीर केला.

१५५ काणकोण तालुक्यातल्या आमोणे - पैंगीण ह्या वाठारात रुप्या उत्सवी आदि लोकोत्सव महोत्सव चालू आसून आयज दुसऱ्या दिसा जाल्ल्या सुवाळ्यात ह्या महात्सवाचे मुखेल आयोजक आनी कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकार हांचो कॅलिफोर्निया हांगाच्या 'द अमेरिकन युनिव्हर्सिटी' ह्या विद्यापिठाचे कुलगुरु मधुकृशन हांणी भांगरा पदक दिवन भौमान केलो. तवडकार हांणी जे सामाजिक काम केला ते खातीर हो भौमान अशें मधुकृशन हांणी सांगलें. तीन दिसांच्या ह्या महोत्सवाच्या आयच्या दुसऱ्या दिसा गोंय राज्याचे भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत, आदल्यो केंद्रीय मंत्री डॉ. भारती पवार ह्या हाजीर आसल्यो. ह्यावेळार उलयताना दिगंबर कामत हांणी देशातली आदिवासी संस्कृती ही पुरातन आसून ह्या संस्कृतीखातीरच भारत अखंड उरला अशें मत

उक्तायले.वेगवेगळ्या राज्यातल्या लोक कलाकारांनी वांटो घेतिल्ल्या ह्या महोत्सवाचे उक्तावण काल छत्तीसगडाचे मुखेलमंत्री विश्णू देव साय हांचे हस्तुकी जालें. ह्या वेळार उलयताना गोंयांतलो हा आदि लोकोत्सव राश्ट्रीय पावंड्यार स्वत:ची वळख निर्माण करपाक शकला अशें मत उक्तायले.फाल्या ह्या महोत्सवाचो समारोप जावपाचो आसून गोंयचे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हे मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर रावपाचे आसात. केंद्रीय राज्यमंत्री श्रीपाद नायक तसेच राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे हे ह्यावेळार हाजीर आसतले.

भारतीय जनता पक्षाच्या गोंय फाट्यावतीन विकसित भारत - रोजगार आणि आजीविका हमी अभियान (ग्रामीण) ह्या कायद्याचे केंद्रिय अक्षय उर्जा मंत्री श्रीपाद नायक आनी प्रवासी भारतीय वेव्हार आयुक्त एड. नरेंद्र सावयकार हांणी स्वागत केला .पणजे भाजप मुख्यालयात घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार ते उलयताले. केंद्र सराकरान चालीक लायिल्ली ही येवजण सर्नसामान्य मनशांक आत्मनिभर करपी आसा अशे केंद्रिय अक्षय उर्जा मंत्री श्रीपाद नायक हांणी म्हणला.bytes श्रीपदा नाईक

ह्या कायद्यावरवी गरजेवंताक जगार आनी अर्थिक सक्षम करपाची ताक आसा अशे नरेंद्र सावयकार हांणी म्हणला. Bytes

.

अनुसूचीत जमातीतल्या विद्यार्थ्यांक स्पर्धात्मक परीक्षां खातीर आर्थिक मजत दिवपी भगवान बिरसा मुंडा लक्ष्य सिद्धी योजना अधिसूचीत जाल्या. ही एवजण लावार्थ्या मेरेन पावोवपाक उच्च माध्यमिक शाळांच्या मुखेल्यांनी येत्न करचे अशें राज्याच्या आदिवासी कल्याण संचालनालयान मांगलां. भगवान बिरसा मुंडा लक्ष्य सिद्धी येवजणेखाला विज्ञान फाट्यांतल्या अकरावी आनी बारावी यत्तेखातीर दोन वर्सां नीट आनी जेईई परीक्षे खातीर प्रशिक्षण घेवपाक वट्ट ३ लाख रुपयांची अर्थीक मजत मेळटा. ही येवजण चडान चड विद्यार्थ्यां मेरेन पावची हे खातीर शाळा मुखेल्यांनी : ह्या येवजणेविशी शाळांनी पोस्टर लावचे , सूचना फलकाचेर म्हायती दिवंची , अर्ज करचे खातीर मजत करची अशें आदिवासी कल्याण संचालनालयान कळींत केलां.

१३ जानेवारीसावन मडगावात सुरु जावपी तिसऱ्या बुलबुल आंतरराष्ट्रीय बाल चित्रपट महोत्सवात ३८ देशांतले वट्ट ७३ सिनेमा प्रदर्शित करतले. मडगावच्या रवीन्द्र भवन वाठारात हो महोत्सव जातलो.
काल राती उसरा मडगावां घेतिल्ल्या पत्रकार परिशदेत भाैशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी ही म्हायती दिली. हे सगळें सिनेमा वेगवेगळ्या भाशांतले आसले तरी ल्हान भुरग्यांचेर, शिक्षकांचेर आनी पालकांचेर संस्कार करपी आसतले अशें ह्यावेळार सांगलें.म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याचे संचालक दीपक बांदेकार, शिक्षण खात्याच्यो संचालक सिंधू प्रभूदेसाय, महोत्सवाचे संचालक बिपीन खेडेकार आनी हेर मानेस्त ह्या पत्रकार परिशदेक हाजीर आशिल्ले. १३ जानेवारी दिसा

सांजवेळा ५ वरांचेर मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी ह्या महोत्सवाचे उक्तावण जातले. राष्ट्रीय स्तराचेर पुरस्कार प्राप्त जाल्ले नागराज मंजुळे हे हयावेळार हाजीर आसतले.
ह्या महोत्सवात गोंयांतल्या सगल्या वाठारांतल्यान शाळांतले विद्यार्थी वांटेकार जावपाचे आसून भुरग्यांखातीर सिनेमा वांगडाच वेगवेगळ्यो सर्ती, कार्यशाळा आनी मनरिजवणेच्यो कार्यावळी घडोवन हाडल्यात अशी म्हायती महोत्सवाचे संयोजक बिपीन खेडेकार हांणी दिली.

बिंब परिवार,दिवचल कोकणी सेवा केंद्र आनी साखळी कोकणी सेवा केंद्र हांच्या जोडपालवान फाल्यां आयतार 11 तारखेर बिंब मासिकाचो रौप्य महोत्सवी भतग्राम विशेषांक प्रकाशन सुवाळो दिवचल शहरात जातलो .ही कार्यावळ दिवचलच्या छत्रपती शिवाजी महाराज शाळा संकुलात सकाळी साडेनऊ वरांचेर जातलो. उक्तावण सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हणून मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हजर आसतले.

गोंयात ९- ११ जानेवारी ह्या काळात पणजे कला अकादमीत २१ जागतिक मराठ स्नेमलन सुरु आसा. हे फांटभुयेर आयज सन्मेलनाच्या दुसऱ्य दिसा मांडवीच्य देगेर मराठ काव्य सन्मेलन जाले . हे खेरीज शिवाय आदित्य जांभळे हांची तांच्या सिनेमाच्या कामगिरीविशी म्हायती दिवपी खासा मुलाखत जाली.तशेच तंत्रज्ञान दशा आनी दिशा ह्या विशयाचेर कृत्रिम बुद्चो उपेग आनी सायबर सुरक्षा हे विशयाचेर खासा चर्चासत्र जाले.

गोंय भारतांतलें एक मुखेल पर्यटन थळ म्हूण आपली सुवातराखून आसा कोविड म्हामारी उपरांत पर्यटन मळार बरीच वाड जाताना 2025 वर्सा 1.08 कोटी पर्यटक गोयात आयल्या.

महामारी उपरांतल्या काळांत पर्यटन मळार परत एकदां नेट आयलो. 2023त गोंयांत वट्ट 86लाख 28हजार 162 पर्यटक आयिल्लें, तर 2024त हो आंकडो लक्षणीय वाडून 1कोटी ,04लाख 09हजार 196 इतलो जालो. 2025च्या ताज्या आकडेवारी प्रमाण, गोंयांत 1 कोटी,02 लाख,84, हजार 608 देशांतर्गत आनी 5, लाख 17, हजार 802 परदेशी पर्यटक आयले आनी वट्ट पर्यटकांचो आंकडो 1 कोटी,,08 लाख,02, हजार 410 इतलो जालो.2025 मेरेन 189 चार्टर उड्डाणां वरवीं 40, हजा336 परदेशी पर्यटक गोंयांत आयलें. चार्टर सेवा दाबोळी आनी मोपा ह्या दोनूय विमानतळांवर सुरू आसा.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाणआयज पणजेत चडात चड तापमान३3.3.6औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे १९ औंश सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच मुरगावात चडात चड तापमान३3 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे 19.6 औंश सेल्सिअस नोंद जाला . तशेच राज्यात हवामान सुके आसतले. अशे वेधशाळेन म्हणला

दिवातल्या घोघला बिचार चाली आशिल्या  खेलो इंडिया बीच गेम्सत ,दादलांच्या व्हॉलीबॉल सर्तीत गोयच्या तेजस आनी प्रबल ह्यांचे जोड्येन भांगरा पदक जिंखले. निमणे फेरयेत ताणी तामिळनाडूच्या राजेश व एस. बराथ जोडीचेर  २-आड ० अशा फरकाने मात केली.

EK FAVAT MUKHEL  खबरो

दाल्गाद कोंकणी अकादेमीचे वर्सुकी पुरस्कार जाहीर जाल्यात. आनी तोमाझीन कार्दोज हांका दाल्गाद जीवनगौरव पुरस्कार जाहीर जाला

अनुसूचीत जमातीतल्या विद्यार्थ्यांक स्पर्धापरीक्षां खातीर आर्थिक मजत दिवपी भगवान बिरसा मुंडा लक्ष्य सिद्धी योजना अधिसूचीत जाल्या

गोंय भारतांतलें एक मुखेल पर्यटन थळ म्हूण आपली सुवातराखून  आसा 2025त गोंयांत 1.08 कोटी पर्यटक आयलें

बिंब मासिकाचो रौप्य महोत्सवी भतग्राम विशेषांक प्रकाशन सुवाळो फाल्यां जातलो .